**Panaji regional news**

**24.05.2025,,7.20pm**

**नीती**

संवसारीक मानकां प्रमाण आनी सगळ्यो सुविधा आनी मुळावी बांदावळ दिवन दरेका राज्यांत उण्यांत उणें एक पर्यटन थळ विकसीत करचे अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी राज्यांक उलो मारला. नवी दिल्लींत निती आयोगाचे धावे गव्हर्निंग काउन्सिल बसकेचे अध्यक्षपदार उलयतांना प्रधानमंत्री मोदी हांणी 'एक राज्य: एक संवसारीक थळ ' ह्या विशयाचेर भर दिलो आनी हाका लागून शेजारच्या शारांची पर्यटन थळ म्हूण उदरगत जातली अशें सांगलें. फुडाराक तयार जावपी शारां खातीर वावुरपाची गरज आसा हाचेर भर दितना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, भारत नेटान शारीकरण करता. वाड, नवनिर्माण आनी टिकावूपण हें शारांच्या उदरगतीचें इंजिन आसूंक जाय अशें तांणी भर दिलो. हेर राज्यांच्या मुखेलमंत्र्यांसयत गोयचे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे बसकेक हाजीर आसा. विकसित भारताचे उद्दिष्ट साध्य करपाखातीर गोंय आपले परीन वाटेकार जातले, अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी म्हणला. विकसित भारत 2047 हो बासकेचो अजेंडा आसा.

**सचिव अभिलाष**

नुसते व्यवसाय, पशुसंवर्धन आणि दुग्धव्यवसाय मंत्रालयाच्या नुसते व्यवसाय विभागाचे सचिव अभिलाष लिखी हाणी हालीच गोयातल्या नुसतेमार, नुसतेपालक आणि नुसतेमार संघटनांच्या प्रतिनिधी वांगडा तांचे हुसके सांगपाक आणि अभिप्राय सामायिक करपाक एक आभासी संवादात्मक सत्र आयोजित केले.ह्या प्रतिसाद सत्रांत सहभागीनी नुस्तेमारी क्षेत्रांतल्या जायत्या प्रस्नांचेर भर दिलो, तातूंत ट्रॉलरांक खोल उदकांत वचपाक आडखळ घालपी जहाजांच्या लांबायचेर राज्य पांवड्यावेले नेम, वाडपी खाद्य दर, गोंयांत रोपां आनी उंचेल्या दर्ज्याच्या

नुस्त्याच्या बियाणांची मर्यादीत उपलब्धताय, दुर्येसां संबंदीत लुकसाण भरपाय दिवपी विमो येवजण्यो हांचो आस्पाव जाता. तशेंच ह्या मळार मुळावी बांदावळ सुदारपाची आनी चड अर्थीक आदार दिवपाची गरज आसा हाचेर तांणी भर दिलो. हे आव्हान आसून लेगीत, भागधारकांनी प्रधानमंत्री मत्स्य संपदा येवजणेचो म्हत्वाचो सकारात्मक परिणाम मान्य केलो, येवजणेन स्टार्टअपांच्या वाडीक कसो आदार दिला हाची नोंद घेतली. राष्ट्रीय नुस्तेमारी डिजिटल मंच NFDP हें नुस्तेमारी पशुसंवर्धन आणि दुग्धव्यवसाय मंत्रालयाच्या विभागान मांडलेले पयलेच औपचारिकीकरण हो मंच प्रधानमंत्री मत्स्य किसान समृद्धी सहाय येवजण PM-MKSSY खाला सुरू केला, जी चालू आशिल्ल्या प्रधानमंत्री मत्स्य संपदा योजना PMMSY ची उपयोजना आसा. ह्या फायद्यांचो लाव घेवपा खातीर अर्जदारांक फकत एनएफडीपी पोर्टला वरवीं नोंदणी आनी अर्ज करपाची गरज आसा, जाका लागून प्रक्रिया पारदर्शक आनी कार्यक्षम जातली.

गोंयांतल्या नुस्तेमारां खातीर आनी हेर भागधारकां खातीर ह्या आभासी संवादांतल्यान नुस्तेमारी क्षेत्रांतल्या सरकारी येवजण्यां विशीं जागृताय करपाचेर भर दिवप, खास करून किसान क्रेडीट कार्ड, नुस्तेमारी आनी उदकांची मुळावी बांदावळ उदरगत निधी, राष्ट्रीय नुस्तेमारी डिजिटल प्लॅटफॉर्माचेर नोंदणी, गट अपघात विमो, आदी नुस्तेमारां खातीर मोहीम चालीक लावपाची गरज ही खातीर टोल फ्री क्रमांका वरवी माहिती घेउक शकतात. तळागाळांतल्यान थेट प्रतिसाद एकठांय करप हो ह्या परस्पर संवादात्मक सत्राचो मुखेल हेत आशिल्लो, जाका लागून सद्याच्या समस्यांचेर उपाय काडपच न्हय तर नुस्तेमारी क्षेत्रांतल्या भागधारकांच्या खऱ्या गरजे प्रमाण फुडले सरकारी धोरण तयार करप शक्य जातलें.

तिरंगा यात्रा

भारतीय जनता पार्टीच्या आदवागात फाट्यावतीन आयज  भारतीय सैनाची तुस्त करपी तिरंगा  यात्रा  पणजे आझाद मैदानाचेर आयोजन केल्ले.  ओपरेशन सिंदुरावरवी पाकीस्तानाक चोख उत्तर दिल्या फांटभुयेर जवानाचे कार्य हे तुस्त करपासारखे आसा. सैनचे हे  येस्सवीपणाची तुस्त करपाच्या हेतान ह्या यात्रेचे आयोजन केला अशे मत ह्यावेळार भाजपा आदवागेद फाट्याची निमंत्रक सुलक्षा शेट्ये हांणी दिल्या. सेनान सदाच देशाक आनी भारतीय सुरक्षा दिल्या.ताका लागुन  भारतीय नागरीक सदाच देशाच्या सैनेचे उपकारी आसतले अशे शेट्ये हीणे म्हणला

भाजप आदावागेद फाट्यावतीन राज्यातल्या गरजुवंताक  विनाशुल्क एडवोकॅट एडवायस सेवा दिताता, तशेंच  हेकर काय़देशीर बाबीनी मदत करतात अशी म्हायती  शेट्ये हांणी ह्यावेळार दिला.

NSS

गोंय राज्य एन एस एस विभागाच्या मुखेल्यानी राज्यांतल्या सगळ्या उच्च माध्यमीक आनी म्हाविद्यालय राष्ट्रीय सेवा येवजणेच्या स्वयंसेवकांक भारत पोर्टलाचेर राष्ट्रीय सुरक्षा रक्षक म्हणून नोंदणी करची अशें आवाहन केलां. सध्याची सुरक्षा परिस्थिती मतींत घेतल्यार राष्ट्रीय सेवा येवजणेचे स्वयंसेवक नागरी संरक्षणांत म्हत्वाची भुमिका वठोवंक शकतात. देशाची सेवा करपाची खर इत्सा आशिल्ल्या राष्ट्रीय सेवा येवजणेच्या स्वयंसेवकांक मायभारत पोर्टलाचेर नागरी सुरक्षा स्वयंसेवक म्हणून नोंदणी करपाचें गोवा एन एस एस खात्यान आवाहन केलां. नागरी सुरक्षा झुजारी नोंदणी माय भारत पोर्टलाचेर १२ मे २०२५ सावन सुरू आसा. राज्यांतल्या उच्च माध्यमीक शाळा आनी म्हाविद्यालयांच्या प्राचार्यांनी ही म्हायती सगळ्या विद्यार्थ्यां मेरेन पावोवची आनी नागरी संरक्षण

झुजारी म्हणून नोंदणी करपाक विद्यार्थ्यांक प्रोत्साहन दिवचें अशें केंद्रीय युवा कल्याण आनी खेळां मंत्रालयान मांगलां

मान्सून केरळांत

शेनवारा मान्सून पुराय केरळ सयत तमिळनाडू आनी कर्नाटकाच्या दर्यादेगेवेल्या वाठारांनी दाखल जालो. हवामान अनुकूल आसल्यार फुडल्या 2 ते 3 दिसांनी मान्सून गोंयांत प्रवेश करपाची शक्यताय आसा. सादारणपणान 1 जून दिसा पावस केरळांत प्रवेश करता.अंदू आठ दीस आदीं पावसान केरळांत प्रवेश केला. ताचे आदीं 2009 वर्सा 23 मे दिसा केरळांत पावस पाविल्लो.

हवामान खात्यान हाचे पयलीं मान्सून केरळांत 27 मे दिसा पावतलो असो अदमास काडिल्लो. पूण अरबी दर्यांत तयार जाल्ल्या उण्या दाबाच्या पट्ट्याक लागून आनी बंगालच्या खाडींतल्या हवामानांत बदल जाल्ल्यान पावस ताचे पयलींच आयलो. 25 ते 28 मे ह्या काळांत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या आनी ह्या चार दिसां खातीर ऑरेंज अलर्ट जारी केलां.

भलायकी खाते अधिकारी कारवाय

भलायकी खात्यांत व्हड प्रमाणांत भ्रश्टाचाराचे प्रकरण उक्ते जाले उपरांत 6 अधिकाऱ्यांक निलंबीत करपाची प्रक्रिया सुरु आसा अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिल्या.मेळिल्ले म्हायती प्रमाण, ह्या अधिकाऱ्यां मदीं दोन भलायकी निरिक्षक आनी चार नितळसाण निरिक्षक आसात. हे कर्मचारी भ्रश्टाचार आनी ब्लॅकमेलिंग सारक्या गंभीर प्रकरणांत आसात अशी म्हायती उजवाडाक आयले उपरांत खात्यान तांचे हालचालींचेर बारीक नदर दवरली. खात्याच्या स अधिकाऱ्यां आड निलंबीत करपाची प्रक्रिया सुरू आसा आनी

फुडल्या सप्तकांत ह्या अधिकाऱ्यांचीं नांवां जाहीर करतले अशें भलायकी मंत्री राणे हांणी सांगलें.

खंयच्याच तरेचो भ्रश्टाचार सोंसचें नात. दोशी अधिकाऱ्यां आड खर कारवाय करतले अशें राणे हांणी सांगलें.

मडगांव: तियात्र माचयेचेर ज्यो द दिकरपाली ह्या नांवान लोकप्रिय आशिल्ले तियात्रिस्त जुझे ज्योकी फर्नांडीस हांकां काल २३ मे दिसा दुखेस्त मर्ण आयलें. तांची पिराय ५४ वर्सां आशिल्ली. फाल्यां आयतारा २५ मे दिसा तांच्या कुडीचेर निमणे संस्कार जातले.

ज्यो द दिकारपाली हे फाटलीं 35 वर्सां तियात्र माचयेर सक्रीय आसले. दरवटो, एकवोट, दोन व्हड्यांचेर पाय, जिवीत आमचें अशें, तीन फुलां, वाळटी हे तांचें कांय गाजिल्ले तियात्र जावन आसात. तांणी जॉन डी'सिल्वा आनी क्रूझ पिंटो ह्या दिग्दर्शकांसयत जायत्या दिग्दर्शकांच्या हाताखाला काम केलां. गोवा तियात्र अकादेमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोझा, उपाध्यक्ष मार्कुस गोन्साल्वीस आनी नॉन स्टॉप तियात्रिस्त संघटनेचे अध्यक्ष आर्नोल्ड कोस्ता हांणी तांच्या मरणाचेर दुख्ख उक्तायलां.

मन की

फाल्यां सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवणीचेर जावपी मान की बात कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी देशभरांतल्या आनी विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार मांडतले. म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 122वो भाग आसतलो. आकाशवणी आनी दूरदर्शन नेटवर्क, ऑल इंडिया न्यूज संकेतथळ आनी न्यूजएअर मोबायल ॲपां वरवी  हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो.

हाज

साउदी अरेबियांतल्या सगळ्यां खातीर सुरळीत आनी त्रासमुक्त प्रवास सुनिश्चीत करपा खातीर भारत सरकारान दिल्ल्या वेवस्था आनी सुविधांच्या दर्ज्याची हाज यात्रेकरुंनी तोखणाय केली. दरेका हाज यात्रेकरु खातीर आरामदायी आणि सन्माननीय प्रवास सुनिश्चीत करपा खातीर मंत्रालय सतत यत्न करता अशें अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्रालयान एक्साचेर पोस्ट केलां. मजगतीं, अल्पसंख्यांक वेव्हार राज्यमंत्री जॉर्ज कुरियन हांणी काल यात्रेकरुंक हाज सुगम आनी यशस्वी जावचो हे खातीर केंद्रान केल्ल्या समर्पीत यत्नांचेर भर दिलो.

पुलाची तपासणी आणि डेक लेव्हलची नोंद करपाक राष्ट्रीय महामार्ग ४ A वेल्या भणास्तरी पूल २५ मे क सकाळी ६.३० ते ८.३० मेरेन सगळ्या प्रकारच्या वाहनां खातीर बंद उरतलो

RBI

भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या संचालक मंडळान 2024-25 या आर्थिक वर्सा केंद्र सरकाराक 2.68 लाख कोटी रुपया परस चड अतिरिक्त निधी हस्तांतरित करपाक मान्यताय दिल्या. मुंबयंत आरबीआयचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्ले मंडळ बसकेंत हो निर्णय घेतला.